# परिशिश्ट - 6

## मार्गदर्शक नोंद – गुंतवणूकदारांखातीर ऍक्सचेंजीच्या वेव्हारा खातीर अशें करचें अशें करचें न्हय

| वेपाराक सुरवात करच्या आदीं |
|---|
| 1. तुमी फकत SEBI नोंदणीकृत माध्यमां वरवींच वेव्हार करतले हाची खात्री करून घेवची. तुमी स्टॉक ऍक्सचेंजीच्या www.exchange.com आनी SEBIच्या www.sebi.gov.in ह्या वॅबसायटी वयल्या सुचयेंतल्यान तांचो SEBI नोंदणी प्रमाणपत्र क्रमांक तपासूं येता.<br>2. तुमी KYC फॉर्म पुरायेन भरतात आनी KYC फॉर्मातल्यो को-यो सुवाती खोडटात हाची खात्री करून घेवची.<br>3. तुमी सगळे सक्तीचे दस्तावेज जशे स्टॉक ब्रोकराचीं हक्क आनी जापसालदारकी, जोखीम प्रगटीकरण दस्तावेज, धोरण आनी कार्यपध्दती दस्तावेज वाचल्यात हाची खात्री करून घेवची.<br>4. तुमच्या आनी तुमच्या स्टॉक ब्रोकराच्या मदीं मान्य जाल्लीं कसलींय स्वतंत्र पोटवाक्यां आसात जाल्यार, तीं वाचपाची, समजून घेवपाची आनी मागीर सायन करतले म्हणपाची खात्री करून घेवची. पोटवाक्यां तुमच्या आनी स्टॉक ब्रोकराच्या मजगतीं मान्य जाल्यांत आनी तुमच्या मान्यताये शिवाय बदलूंक मेळचीं नात हाची नोंद घेवची.<br>5. सगळ्या दलाली, कमीशनां, फी आनी ब्रोकरान तुमचेर वेपाराखातीर आनी SEBI/स्टॉक ऍक्सचेंजीन स्पश्ट केल्ले समर्पक तडजोड/मार्गदर्शक तत्वां खातीर लायिल्ल्या हेर शुल्कांची स्पश्ट कल्पनां करून घेवची.<br>6. तुमी अंमलबजावणी केल्लीं सगळीं कागदपत्रां आनी दस्तावेजांची प्रत स्टॉक ब्रोकरा कडल्यान निशुल्क मेळोवची.<br>7. तुमकां तुमचे बँक आनी डिमट खातें हाताळूंक स्टॉक ब्रोकराच्या फावोरान पॉवर ऑफ ऍटर्नी (POA) दिवची आसल्यार, उपकार करून SEBI/ऍक्सचेंजीन त्या संबंदान जारी केल्लीं मार्गदर्शक तत्वां पळोवंची. |
| **उलाढाली आनी समेट** |
| 8. तुमी लेखी स्वरूपांत विशेश करून अधिकार दिलो जाल्यार स्टॉक ब्रोकर इलॅक्ट्रोनीक नोंदी (ECN) जारी करूंक शकता. ते खातीर तुमी स्टॉक ब्रोकराक तुमचो ईमेल आयडी दिवंक जाय. तुमकां संगणकाचो परिचय ना जाल्यार ECN खातीर वेंचचें न्हय.<br>9. तुमच्या माजाळयाच्या वेपार खात्याचो पासवर्ड कोणांवांगडा वांटचो न्हय.<br>10. स्टॉक ब्रोकराक नकद रक्कम केन्नाच फारीक करिनाकात.<br>11. स्टॉक ब्रोकराच्या फावोरान खात्यांत फारीक करपाक चेक काडचो. स्टॉक ब्रोकराच्या नांवान चेक काडचो न्हय. तारीख, स्क्रीप, प्रमाण, खंयच्या बँक/डिमट खात्यांत तसले पयशे वा सिक्युरिटी दवरल्यात आनी बँक/डिमट खातें खंयचें आसा ह्या म्हायती सयत तुमच्या स्टॉक ब्रोकरा वांगडच्या पगार/सिक्युरिटीच्या ठेवीचो दस्तावेज पुरावो तुमच्या कडेन आसा हाची खात्री करून घेवची.<br>12. स्टॉक ऍक्सचेंजीच्या वॅबसायटीचेर वेपार पुनर्तपासणी सुविधा आसा जंय करार नोंदीत उल्लेख केल्ले प्रमाणें वेपाराच्या तपशीलाची तपासणी करूं येता, हाची नोंद घेवची.वॅबसायटी वयल्या वेपार तपशीलात करार नोंदयेंत उल्लेख केल्लो तपशील जुळना जाल्यार, संबंदीत स्टॉक ऍक्सचेंजीच्या गुंतवणूक कागाळ कक्षाकडेन तत्काळ संपर्क करचो.<br>13. तुमी चालू खातें हाताळूंक, निधीचे पेआवट सांबाळूंक वा सिक्युरिटीच्या डिलीवरी (जशें आसा ते प्रमाणें) खातीर विशिश्ट अधिकार दिल्लो आसा जाल्यार, ऍक्सचेंजीतल्यान पेआवटची पावती मेळिल्ल्याच्या एका कामकाजाच्या दीसा घडये मेळना. ताका लागून, स्टॉक ब्रोकर मुखावयल्या शर्तींप्रमाणें तुमच्या खातीर चालू खातें सुरू करूंक शकता:<br>a) तुमच्या कडल्या तसल्या अधिकाराचेर तारीख आसूंक जाय, तुमची ताचेर स्वाक्षरी आसूंक जाय आनी तुमी खंयच्याय वेळार रद्द करूंक शकता अशें पोटवाक्य तातूंत आसूंक जाय.<br>b) स्टॉक ब्रोकरान दिनदर्शिकेतल्या पंधरा दिसांनी वा म्हयन्यान, असो किमान एकदां, तुमच्या पसंतीप्रमाणें, निधी आनी सिक्युरिटींचो वास्तविक समेट करूंक जाय.खात्याचो समेट करतना, क्लायंटाच्या निधींच्या लेजरांतल्यान काडिल्लें आनी सगळयो पावत्यो/निधी आनी सिक्युरिटीची डिलीवरी दाखोवपी 'खात्यांचें निवेदन' स्टॉक ब्रोकरान तुमकां धाडूंक जाय. निवेदनात निधींची धारणाशक्ती आनी प्लिज्ड शॅर, खंयचेय आसल्यार तांच्यो सिक्युरिटी आनी तपशील सुध्दां स्पश्ट करता. |

c) समेटाच्या तारखेक, स्टॉक ब्रोकरान उरिल्ल्या बंधनांच्या अनुशंगान गरजेच्यो सिक्युरिटी/निधी हाताळूंक जाय आनी फुडल्या 5 वेपार दिसां खातीर अपेक्षीत आशिल्लो साधीत फायद्याचो निधी सुध्दां दवरूंक जाय. नकद बाजाराच्या उलाढालीत, स्टॉक ब्रोकरान समेटाच्या तारखेक सावन क्लायंटा कडल्यान देय आशिल्लो निधी आनी सिक्युरिटीची पुराय फारीक-करची आशिल्ली रक्कम हाताळूंक जाय, ताणें नकद बाजारांत तशा समेटाच्या दिसा अंमलबजावणी करपाच्या मोलाचो निधी/सिक्युरिटी/फायदो दवरचो पडटलो.

d) तुमी खात्याच्या निवेदनातल्यान वा समेटातल्यान उप्राशिल्लें कसलेंय किजील आसल्यार निधी/सिक्युरिटी वा निवेदनाच्या पावतीच्या तारखे सावन कामकाजाच्या 7 (सात) दिसां भितर स्टॉक ब्रोकराक लिखीत सुचोवणी वरवीं कळोवंक जाय. किजल आसल्यार, लिखीत स्वरूपांत संबंदीत स्टॉक ऍक्सचेंजीच्या गुंतवणूकदाराच्या कागाळ कक्षाकडेन कळाव करिनास्तना प्रकरण व्हरचें.

14. चालू खातें सांबाळपाक तुमी वेंचील्लें नासल्यार आनी ऍक्सचेंजी कडल्यान फारीकसाणेची पावती मेळिल्ल्या दिसासावन निधी/सिक्युरिटीची फारीकसाण फुडल्या कामकाजाच्या दिसामेरेन जाली ना जाल्यार, उपकार करून स्टॉक ब्रोकराक कळोवचें. किजील आसल्यार संबंदीत स्टॉक ऍक्सचेंजीच्या गुंतवणूकदाराच्या कागाळ कक्षाकडेन कळाव करिनास्तना लेखी कागाळ करची.

15. उपकार करून वेपार खात्री ऍलर्ट मेळोवंक/SMS वा ईमेली वरवीं वेव्हाराच्या दिसाच्या शेवटाक वेव्हाराचो तपशील मेळोवंक स्टॉक ब्रोकरा फुड्यान तुमचो मोबायल नंबर आनी ईमेल आयडी नोंद करचो.

**वेपाराच्या वांहगीपदाचें रद्दीकरण (समाप्ती)**

16. जर, स्टॉक ब्रोकर तांचें वांगडीपद परत करतात जाल्यार, ताका वांगडीपदावयल्यान काडलो वा फटिंग म्हूण जाहीर केलो जाल्यार; स्टॉक ऍक्सचेंजीच्या "वेपाराच्या प्रणालीचेर अंमलबजावणी केल्ल्यो उलाढाली" संबंदान दावे करपाक गुंतवणूकदारांक आमंत्रीत करपाक भौशीक सुचोवणी दितात. संबंदीत स्टॉक ऍक्सचेंजी कडेन दिल्ल्या वेळे भितर आनी सगळया आदाराच्या दस्तावेजांसयत तुमी दावो करूंक जाय.

17. तुमच्या स्टॉक ब्रोकरा वांगडा तुमी ठेव दवरतात त्या पयशे/वा सिक्युरिटीच्या राखणेकडेन तुमी तुमचो परिचय करून घेवचो, चड करून डिफॉल्टाच्या प्रसंगार वा स्टॉक ब्रोकर दिवाळखोर वा कर्जबाजारी जालो जाल्यार आनी तुमी मेळयतात ते पयशे आनी/वा सिक्युरिटीक जंय वेव्हार जाला त्या संबंदीत स्टॉक ऍक्सचेंजी पोट-नियम आनी कायदो लागू जाता.

**किजील/कागाळ**

18. लवादाच्या खटल्याचो तपशील, ब्रोकरा आड पॅनलाची कारवाय आनी गुंतवणूकदाराची स्टॉक ब्रोकरा आडची कागाळ संबंदीत स्टॉक ऍक्सचेंजीच्या वॅबसायटीचेर प्रदर्शीत करतात हाची उपकार करून नोंद घेवची.

19. संबंदीत स्टॉक ब्रोकर/उप-ब्रोकरा वरवीं तुमचो मुद्दो/समस्या/कागाळीचें निवारण केलें गेलें ना जाल्यार मागीर तुमी संबंदीत स्टॉक ऍक्सचेंजीकडेन तें प्रकरण व्हरूंक शकतात. तुमचें तांच्या निर्णयाचेर समाधान जालें ना जाल्यार तुमी तें प्रकरण SEBI कडेन व्हरूंक शकतात.

20. कागाळ दाखल करच्या खातीर सगळे स्टॉक ब्रोकर/उप-ब्रोकरांक SEBI न कागाळ निवारण विभागाचो/पाळो दिवपी अधिकाऱ्याचो ई-मेल आयडी दिवप सक्तीचें केल्लें आसा.